- next gen gst पद्दतीचो फायदो गिरायकांक पावोवपाक उत्पादक, वेपारी, आनी दुकानदारांनी लागु करचो अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी संबंधीतांक केला.
- पीपीपी) मॉडेला खाला राज्यातल्या सात मुखेल प्रकल्पांच्या पुनर्विकासा खातीर नवरत्न उद्देग एनबीसीसी (इंडिया) लिमिटेड कंपनी कडेन  कबलात केल्या.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला मेट्रो नेटवर्क  आणि हेर परिवर्तना विशी आयकत खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट

next gen gst पद्दतीचो फायदो गिरायकांक पावोवपाक उत्पादक, वेपारी, आनी दुकानदारांनी लागु करचो अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी संबंधीतांक केला.हे फांटभुयेर आयज सांजवेळा पणजेंत जागृताय रॅलीची जाली. ह्यावेळार पणजेचे आमदार बाबुश मोन्सेरात तशेच भाजपाचे कार्यकर्ते व्हडा  आकड्यान हाजीर आशील्ले. Gst खातीर गोंयचो hapiness idex वाडटलो असो विस्वास मुखेलमंत्री सावंत हांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

भौशीक-खाजगी भागीदारी (पीपीपी) मॉडेला खाला राज्यातल्या सात मुखेल प्रकल्पांच्या पुनर्विकासा खातीर घर बांधणी आनी शारी वेव्हार मंत्रालयाच्या अंतर्गत भारत सरकाराच्या नवरत्न उद्देग एनबीसीसी (इंडिया) लिमिटेड कंपनी कडेन  कबलात केल्या. दोन वर्सां भितर हे प्रकल्प पुराय जावपाची शक्यताय आसा, तातूंतल्या कांय प्रकल्पांचो बुन्यादी फातर फुडल्या 15 दिसांनी करपाची आसा अशी म्हायती मुखेल्मंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिली.

15 वर्सां परस चड पोरणी आशिल्लीं सगळयो सरकारी गाडयो scrap  करपाक आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत मान्यताय दिल्या. मुखेलमंत्री स्वंयरोजगार येवजणेत कांय सुदारणा केल्यात.महत्वाचे म्हणल्यार ह्या येवजणेचो लाव आता 50 वर्सामेरेन पिराय आशील्ल्या नागरीकांक घेवपाक मेळटलो अशी  म्हायती मुखेलमंत्र्यान दील्या. BYTEcm स्वयं

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारत संसारातलो तिसरो व्हडलो मेट्रो नेटवर्क म्हून उबो आसा. हेविशी आमच्या खबरा विभागान सादर केलो हो खासा रिपोर्ट URBAN

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी फाटल्या 11 वर्सा केल्या खर निर्धारान देशात परिवर्तन घडोवन हाडला. हेविशी आमच्या खबरा विभागान सादर केलो हो खासा रिपोर्ट AFFORDABLE

आयुष मंत्रालयान आज १० व्या आयुर्वेद दिसानिमित्त गोयात पणजी हांगा पत्रकार परिषद आयोजित केली . अखिल भारतीय आयुर्वेद संस्था AIIA गोवाचे संचालक प्राध्यापक (वैद्य) प्रदीप कुमार प्रजापती हाणी म्हणले की, "लोकां खातीर आयुर्वेद, गीऱ्यां खातीर आयुर्वेद" ही थीम वैयक्तिक भलायकी, जागतिक कल्याण, पर्यावरणीय संतुलन आणि शाश्वत विकासाचेर भर दि ता प्रा. (डॉ.) सुजाता कदम, ,AIIAगोवाची डीन यांनी आपल्या उलोवपात सांगले की, आयुर्वेद दिस भलायकी, संतुलन आणि जागतिक मान्यता या दशकभराच्या प्रवासाचे प्रतिबिंब करता.

शिरगांवांच्या लईराई देवस्थानाच्या येवपी जत्रोत्सवा खातीर धोंडांची नोंदणी सुरू जाल्या अशें ह्या देवस्थान समितीचे अध्यक्ष दीनानाथ गांवकार हांणी सांगलें

क्लब टेनिस दी गाश्पार डायसच्या अखिल गोवा प्रमुख मानांक्र टेबल टेनिस सरतीत इशिता कुलासो हाणे तिहेरी तर एरोन फारीयास हाणे दुहेरी किताब मेळयलो

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २4.8  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता